Akashwani Panaji
Regional News

7.20 pm 28th Jan 2025

तुयां हॉस्पिटलांत 50 नर्सी सयत 97 कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करपाक मान्यताय दीला. 2 february तुयेच्या नव्या हाॅस्पीटलाचे उक्तिवण जातले तशेंच सल्लागारांचीय जातली नेमणूक अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत दीला. बंदर कप्तान खात्यांत उप बंदर कप्तान पद भरपाक आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत मान्यताय दीला. हे शिवाय गोंय वैजकीय म्हाविद्‌यालयात लागपी विविध पदा कंत्राटी पद्‌धतीचेर भरपाचो निर्णय जाला. **Byte- cm** मंत्रीमंडळाउपरांत पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत उलयतालो. पत्रकार परीशद सूरू जावच्या पयली महाराश्टाचे उप मुखेलमंत्री अजित पवार हांका दुखेस्त मरण आयिल्ल्याच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत,राज्याचे मुखेल सचिव वी.कान्दावेलु तशेंच अधिकाऱ्यानी अजित पविर हांकि एक मिनीट उबे रावुन आर्गो ओपली.

फुडल्या सप्तका सावन गोंयवैजकीय म्हाविद्‌यालयाच्या हाॅस्पिटलात मेडिसीन, सर्जरी, स्किन, ईएनटी आनी आर्थोपेडिक्स ओपीडींत उपचार घेवपाखातीर ऑनलायन ओपीडी अपॉइंटमेंट बुकींग सुरू जातली. ह्या उपक्रमाक लागून लांब रांक खूब उणी जातली, वाट पळोवपाचो वेळ उणो जातलो आनी दुयेंतींक तांच्या हॉस्पिटल भेटीची बरी येवजण करपाक मदत जातली अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.गोंय वैजकीय म्हाविद्‌यालयाच्या संकेतस्थळाचेर वचुन दुयेतीन नावाची नोंदणी आॅनलाय केल्या उपरांत ह्या ओपीडीच्या सेवेचो लाव दुयेतीक मेळटलो.

कर्मचारी भरती आयोगामार्फत नव्यान निवड जाल्या 21 एकाऊंटंटांक आयज नेमणूक पत्रां दिली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी नेमणूक पत्रांचे वांटप जाले. हे वेळार मुखेल सचीव डॉ. कांडावेलू आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले. सरकारी शिरवीस ही नागरीकांक बरी सेवा दीवपाखातीर आसता,ताका लागुन सरकारी शिरवीशेक लागलो म्हण गर्वान वागचे न्ही अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. नव्यान नेमणुको जाल्या एकाऊंटंटांनी अधिकारी म्हणू वागपा परस सेवेकरी अशे तरेन वागचे, अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केला. नव्यान भरती जाल्ले एकाऊंटंटांक नेमणूक पत्रां दिवचे वेळार उलयताना तांणी हे आवाहन केले. **Byte accountant** जनतेक बरी सेवा दिवन पदाक न्याय दिवपाचे येत्न नव्या एकाऊंटटानी करपाक जाय, अशें तांणी हे वेळार म्हणले. जवाबदारीन काम करात अशे आवाहन ह्यावेळार राज्याचे मुखेल सचीव वी .कान्दावेलु हांणी केला.ह्यावेळार नवीन नियुक्ती जाल्ले लेखापालाचे पालक,तशेच लेखापाल खात्याचे अधिकारी हाजीर आशील्ले.

सध्या बेतूल हांगा चालू आशिल्ल्या इंडिया एनर्जी विक सप्तका खातीर गोंयांत आयिल्ले युएईचे उच्चायुक्त अब्दुल्ला हुसेन सलमान मोहम्मद अल मरझूकीच्या सन्मानार्थ गोंयचे उद्देग मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी वार्का हांगाच्या एका पाच नखेत्री हॉटेलात जेवणाचें आयोजन केलें. ह्या वेळार गोंयच्या उद्देग आनी वेवसाय क्षेत्रांतले प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. तांचे कडेन ताणी संवाद सादलो.द्विपक्षीय अर्थीक संबंद घटमूट करप, उद्देगीक सहकार्याक चालना दिवप आनी परस्पर वाड आनी वांटून घेतिल्ल्या संदीचेर आदारीत गोंय आनी युएई हांचे मदीं भागीदारी खातीर फुडाराचे मार्ग सोदून काडप हाचेर ह्या संवादांत चर्चा जाली. ते खातीर दोनूय देशां मदीं रचनात्मक संवाद सादपा खातीर एक म्हत्वाचो मंच अासचो अशें मत उक्तायले. गोंय सरकार, उद्देग आनी आंतरराष्ट्रीय भागीदार हांचे मदीं अर्थपूर्ण संवाद वाडोवपाक आनी संवसारीक वेवसाय आनी सहकार्या खातीर गोंय एक आकर्शक केंद्र म्हूण स्थापन करपाक अशा बसकांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें गुदिन्हो हांणी ह्यावेळार सांगलें.सीआयआय गोंय अध्यक्ष अर्जुन चौगुले, जीएसआयए अध्यक्ष प्रदीप डी'कोस्ता, जीएसआयए आदले अध्यक्ष अनिरुद्ध धेंपो, गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स अध्यक्ष प्रतिमा धोंड, बीएनआयचे संस्थापक वांगडी राजकुमार कामत, बुलॉयन्सी कन्सल्टन्सीचे सीईओ प्रसाद सावंत, आयडीसी संचालक संदीप सूद, सीआयआय गोंय राज्य अध्यक्ष अंकुर प्रमाल, चेंबर ऑफ कॉमर्स आदले अध्यक्ष मंगीश रायकर, ह्या वेळार सीआयआय गोंयचे उपसंचालक सेसिल पिंटो आनी कारावेला हॉटेल्साचे अध्यक्ष सुंदर अडवाणी अशे मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

वाडत्या लोकसंख्येच्या फाटभुंयेचेर संवसाराक लागपी अदिक उर्जा आनी त्या खातीर आसपी पर्याय ह्या विशयांचेर इंडिया एनर्जी विकच्या आयच्या दुसऱ्या दिसा खंबीरपणान चर्चा जाली. उर्जा वाठारांत काम करपी कंपन्यो आणि तज्ञ हांचाे आस्पाव आशिल्ली वट्ट २७ चर्चासत्रां आयच्या दुसऱ्या दिसा घडोवन हाडली.एआय तंत्रज्ञानाच्या फाटभुंयेचेर उर्जेची गरज, एलएनजीची वाडती मागणी, ओपेकच्या दृश्टीकाेनांतल्यान तेलाची गरज आदीं विशयांचो ह्या चर्चासत्रात आस्पाव आसलो. भारताच्याे उर्जेच्यो गरजो पुराय करपाखातीर कॅनडा, जपान, युएई, दक्षिण कोरिया आदी देशांकडल्यान मेळपी मजत हेविशीं चर्चा जाली. ह्याविशी काय कबलातींय जाल्यो.उर्जेच्या मळार भारतीय कंपन्यांनी लायिल्ले नवे सोद हांचेय प्रदर्शन ह्यावेळार जाले. इंडियन ऑयल कॉर्पोरेशनान तयार केल्ले हायड्रोजन आदारित ड्रोन हेविशीं आयओसीचे कार्यकारी संचालक सौरव दत्त हांणी म्हायती दिली. जाल्यार हिंदुस्थान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन ह्या कंपनीकडल्यान हायड्रोजन मोबिलिटी आनी सस्टेनेबल बायो फ्युएल ह्या वाठारात हे नवे संशोधन केला तेविशीं कॉर्पोरेशनचे सरव्यवस्थापक अनुपम तिवारी आनी संशोधन विभागाचे मुखेली विपुल महेश्वरी हांणी म्हायती दिली.

इंडिया ट्रॅव्हल मार्ट (आयटीएम) गोवाचे उक्तावण आयज जाले. उत्तराखंड आनी पंजाबच्या राज्य पर्यटन पर्यटन मंडळां, प्रवास वेपार, प्रवास एजंट, पर्यटन आयोजक, हॉटेलकार, मुखेल संघटनेचे अधिकारी हयावेळार हाजीर आशील्ले.हया मार्टावरवी तीन दिसांचें बी टू बी प्रवास आनी पर्यटन प्रदर्शन आयोजीत केला.जाल्यार ही कार्यावळमळा पणजे वाठारातल्या कन्वेंशन सेंटरात सूरू आसा. हया मार्टाचे पंजाब पर्यटन (भागीदार राज्य), उत्तराखंड पर्यटन (फीचर राज्य) म्हण वाटो घेतला.गोंय आनी लागसारच्या शारांतल्या बी टू बी ट्रॅव्हल एजंट आनी टूर ऑपरेटरांक राज्य पर्यटन खात्यां कडेन, आनी हॉटेल मालकांक संवाद सादपाक, आनी तांच्या उत्पादनांचो प्रचार हया मार्टावरवी जातलो.हें प्रदर्शन घडोवन हाडपाचें मुखेल ध्येय म्हळ्यार पर्यटनाची जागृताय वाडोवप.

नवी दिल्लीत “भारत पर्व” उत्सवात गोंयच्या कलाकारां वतीन दर दिसा गोंयच्या लोककलेचे सादरीकरण करपात येता. गोंयच्या पारंपरीक लोककला दायजाचेर सादर करपात येवपी सांस्कृतीक कार्यक्रमांक प्रेक्षकांचो उपाट प्रतिसाद मेळटा.कुर्टी- केळबाय हांगाचो लोककला कलाकारांचो पंगड दिनेश प्रियोळकर हांच्या फुडारपणा खाला कळशी नाच, जागर, देखणी, घोडेमोडणी आदी लोककला प्रकार सादर करपात येतात.कलाकारांच्या पंगडात दिनेश प्रियोळकर, विपुल गावडे, धिरज गावडे, प्रशांत गावडे, मंजीता नाईक, निकिता गावकर, अर्पिता सावंत आनी किरण गावकर हया कलाकारांचो आस्पाव आसा. हया सादरीकरणांत राज्याची संस्कृतीक विविधताय, विधीपुर्वक परंपरा, आनी दायज दिसून आयलें.अवनी खेडेकार हांणी हया कार्यावळीचें नृत्य दिग्दर्शन केलें, पारंपारीक रुपांचें प्रामाणीक प्रतिनिधित्व सुनिश्चीत करतना तांकां राष्ट्रीय माचये खातीर अनुकूल केलें. सादरीकरणाचें संगीत dr साईश देशपांडे हांणी रचलें आनी दिग्दर्शीत केलें, ताका लागून एकंदर सादरीकरणांत खोलाय आनी ताल जोडली.प्रदर्शकांनी हया सादरीकरणाक वेशभूषा, लयबद्ध अभिव्यक्ती, आनी सादरीकरणाची सांस्कृतीक दायज दाखयलें . हया काऱ्यक्रमान गोंयच्या गिरेस्त लोकपरंपरेचेर प्रभावीपणान भर दिलो आनी भारत पर्व 2026 च्या व्यापक उद्देशाक योगदान दिलें-भारताच्या विविध सांस्कृतीक दायजाची परब हया सादरीकरणा वरवीं मनयले.

गोवा शुटिंग बॉल असोसिएशनान आयोजीत केल्ले 25 वे राज्य शुटिंग बॉल वस्तादपण सर्तीत तोरशेंच्या शहीद रामसिंग मेमोरियल सरकारी हायस्कूलाच्या चल्यांचो पंगड वस्ताद थारलो जाल्यार चल्यांचो पंगड उपजैतिवंत थारलो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 31.7 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 21.5 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.